Panaji Regional 26th April 2026 7.25am

Mann Ki Baat

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आज सकाळीं 11 वरांचेर आकाशवाणी वेल्या ‘मन की बात’ कार्यावळीं वरवीं देश विदेशांतल्याP लोकां कडेन संवाद सादतले. हो ह्या म्हयन्याळ्या रेडिओ कार्यावळीचो 133वो भाग आसतलो. आकाशवाणी आनी दूरदर्शनाच्या पुराय नेटवर्काचेर, AIR News वेबसायटीचेर आनी Newsonair मोबायल ॲपाचेर हो कार्यक्रम प्रसारीत जातलो. तशेंच AIR News, डीडी न्यूज, पीएमओ आनी म्हायती आनी प्रसारण मंत्रालयाच्या युट्युब चॅनलांचेर ताचे थेट प्रसारण जातले. हिंदी प्रसारणा उपरांत रोखडेंच आकाशवाणी प्रादेशिक भाशांनी ही कार्यावळ प्रसारीत करतली.

SSC

गोंय शालान्त मंडळान घेतील्ल्या यत्ता धावेच्या परीक्षेचो निकाला आज सांजे 5 वराचेर पर्वरी हांगा शालान्त मंडळाच्या मंथन सभाघरात जाहीर जातलो.

Sushant

साकवाळच्या बिट्स पिलानीं विद्यालयातल्या विद्यार्थ्यांनी आत्महत्या केल्ल्याचे फाटभुंयेर ह्या विद्यार्थ्यांक मानसिक आधार दिवपाखातीर कितें उपाय घेतल्या हेविशी दक्षिण गोंय जिल्लोधिकारी एग्ना क्लिटस हांणी मडगावा नियाळ बसका घेतली. हे बसकेंक उच्च शिक्षण संचालक भूषण सावयकार तसेच बिट्स वेवस्थापनाचे अधिकारी हाजीर आशिल्ले.

मानसीक भलायकेच्या संबंदी विद्यार्थ्यांक आदार दिवपा खातीर बिट्स कॅम्पसांत 24×7 समुपदेशन केंद्र उक्तें दवरचें, आनी बिट्स अधिकाऱ्यांनी विद्यार्थ्यांक मानसीक आदार दिवपाक नेमान तांचेकडेन समन्वय दवरचो अशी सुचोवणी केली. तशेंच विद्यार्थ्यां खातीर योग, खेळां सर्ती आनी भलायकी शिबिरां आयोजीत करची अशी सुचोवणी मुखार आयली.

इतले मजगतीं, सर्वोच्च न्यायालयाच्या आदेशा प्रमाण भौशीक सुवातेर पारपोळ सुण्यांच्या हालचालीचेर नियंत्रण दवरपा खातीर कुशावती जिल्ह्यांत घेतिल्ल्या

उपायांचेर अतिरिक्त जिल्लोधिकारी रमेश गांवकार हांणी नियाळ घेतलो. शाळा, भलायकी केंद्रा आनी बस स्टँडाचेर सुण्यांची हालचाल बंद करपा खातीर बेगोबेग उपाय करचे, तसेच गांवांतले कोयर वेवस्थापन सुदारपा बरोबर पारपोळ सुण्यां खातीर पोसवण केंद्रां सुरू करपाक थळाव्या पंचायतींक आनी नगरपालिकांक सांगचें अशें बसकेंत थारायलें.

सागर मुळे

राष्ट्रपती भवनांतल्या 'आर्टिस्ट इन रेसिडेन्सी' कार्यावळींत फोंणेच्या सागर मुळे हांचो कावी कला तिगोवन दवरपा खातीर ताणी केल्ल्या अमूल्य योगदाना खातीर भारताच्यो राश्टपती द्रौपदी मुर्मू हाणी भौमान केला. गोंयच्या कावी कला ह्या पुर्विल्ल्या सांस्कृतीक दायजाची तोखणाय राश्टपतीनि केली.

हो गोंयच्या मातयेन रूजील्ल्या कावी कलेचो आनी गोंयचो भौमान स्विकारतना खुब खोशी जाली अशे ह्या वेळार कलाकार सागर मुळे हांणी म्हणला.

कर्मचारी

कर्मचारी भरती आयोगातर्फे पुलीस शिपायांच्या 500 पदांसयत सातशेणव पदांखातीरची पयली सीबीटी परीक्षा 16 मे, 17 मे, 24 मे, 30 मे आनी 31 मे अशें 5 दीस जातली. कर्मचारी भरती आयोगान 13 फेब्रुवारी 2026साक ह्या पदांखातीर अर्ज मागोवपी जायरात दिल्ली.

Weather

हवामान खात्यान गोंयांत आज पावसाचो यलो अलर्ट जारी केल. तशेंच उबाळ्यचो लेगीत यलो अलर्ट दिला. शेनवारा पणजे उण्यांत उणें तापमान वाडून 27.9 अंश सेल्सियस मेरेन पाविल्लो. गोंयांत चडांत चड तापमानांत वाड जाल्ल्यन उबाळ कायम आशिल्लो. फुडले स दीस गोंयांतलें चडांत चड तापमान 34 ते 36 अंश सेल्सियस जाल्यार उण्यांत उणें तापमान 25 ते 26 अंश सेल्सियस मेरैन आसपाची शक्यताय हवामान खात्यान उक्तायल्या. 27 एप्रील ते 1 मे ह्या काळांत गोंयांतलें वातावरण

सुकें आसपाची शक्यताय आसा. गोंयांत 1 मार्च ते 25 एप्रील ह्या काळांत सरासरी 2.4 मिमि. पावलाची नोंद जाल्या.

Sports

आयपीएल क्रिकेटांत काल रातीं जयपूरच्या सवाई मानसिंह स्टेडियमांत सनरायझर्स हैदराबादान राजस्थान रॉयल्साक 5 विकेटींनी हारयलो. ताचे आदीं  नवी दिल्लीच्या अरुण जेटली स्टेडियमाचेर जाल्ल्या आनीक एका मॅचींत पंजाब किंग्सान  दिल्ली कॅपिटल्साक 6 विकेटींनी हारयलो.

आयज डबल हेडरांत चेन्नयतल्या एमए चिदंबरम स्टेडियमांत  चेन्नय सुपर किंग्स गुजरात टायटन्सा आड खेळटलो.  दुसरे मॅचींत लखनौत रलखनौ सुपर जायंटस आनी कोलकाता नाइट रायडर्स हांचे मदि मॅच जातली.